Panaji regional news

18 oct 2025 ,7.20pm

**प्रधानमंत्री नरेंद्र**

देश बेगीनच नक्सलवाद आनी माओवादी हिंसाचारांतल्यान पुरायपणान मुक्त जातलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिला. फाटल्या 11 वर्सांत माओवादी आतंकवादाचेर मात करपाच्या मळार व्हडलीशी उदरगत जाल्या अशें तांणी सांगलें. श्री मोदी हांणी काल नवी दिल्लींत संवसारीक शिखर सभेच्या कार्यावळी वेळार उलयतना सांगलें.प्रधानमंत्र्यान म्हणलें, माओवादी आतंकवाद हो राष्ट्राच्या तरणाट्यां आड व्हड अन्याय आनी व्हड पाप. फाटल्या दशकांत हजारांनी नक्सली लोकांनी हिंसाचाराची वाट सोडून शरण आयल्यात, तातूंत फकत फाटल्या 75 वरांत 303 लोकांनी शरण आयल्यात अशें तांणी सांगलें.

**परबीं**

दिवाळे निमतान राज्यपाल पी अशोक गजपती राजू मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयकारांक  परबीं दिल्या.

राज्यपालान आपल्या संदेशांत म्हणलें, "दिपावळी लाखांनी लोकांच्या काळजांत एक खाशेली सुवात आसा, काळखाचेर उजवाडाचो, अज्ञानाचेर गिन्यानाचो आनी वायटाचेर बरो जैत मेळोवपाचो प्रतीक. हो काळ जेन्ना कुटुंबां एकठांय येतात, घरां दिया आनी कंदीलांनी उजवाडटात आनी समाज व्हड उमेदीन आनी भक्तीन सण मनयतात". राज्यपालान जोडलें, हो उत्सव फकत सुखाची परब न्हय तर आमच्या वांटून घेतिल्ल्या सांस्कृतीक दायजाची आनी करुणा, एकचार आनी एकचार हांच्या मुल्यांची याद करून दिवपी. गोंय सारके  राज्यांत दिवाळी आमच्या

सामुहीक भावपणाची आनी सगळ्या समाजां मदीं शांततायेन सह-अस्तित्वाचीय प्रतिबिंबीत करता. ह्या सोभीत उजवाडाच्या उत्सवाचेर राज्यपालांनी सगळ्या लोकांक समाजाक सकारात्मक योगदान दिवचें आनी गोंय खातीर आनी राष्ट्रा खातीर एक उजवाड, चड समावेशी आनी टिकावू फुडार बांदपाक एकठांय येवन वावर करपाक उलो मारलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी तशेंच सगळयांच्या जिवितांत ताजी उर्जा आनी खोशीची मागणी करतां. दिवाळीचो उजवाड लोकांच्या मनांत आनी काळजाक एकचाराच्या आत्म्यान उजवाड घालचो" अशें

"आमी हो उत्सव मनयतना राज्याच्या दरेका कोनशांत गिन्यानाचो उजवाड पातळावया. आमचो प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी दिल्ल्या उलोवणीचेर चड भर दिवन 'आत्मनिर्भर भारत' आनी 'स्वयंपुर्ण गोवा' ह्या भावनेन थळावी उत्पादनां विकतीं घेवचीं अशें हांव लोकांक सांगतां उदरगतीचो प्रवास अशें सीएम हांणी सांगलें.

## रासय शिपयार् सील

मडगाव: बोटीची बांदावळ चालू अासतना अकस्मात उजो पेटून काल रासय लोटली हांगाच्या विजय मरीन शिपयार्ड हांगा स्फोट जावन दोघां कामगाराक मरण आयिल्ल्यान हे शिपयार्ड सील करपाचो आदेश दक्षिण गोंयच्याे जिल्हाधिकारी अॅग्ना.ि क्लिटस हांणी आयज दिलो. त्या उपरांत ह्या शिपयार्डाक कुलप लायला. कारखाने बाष्पक खाते, कामगार खाते आनी प्रदुषण नियंत्रण मंडळ हांणी ह्या यार्डाची तपासणी करुन तेविशींचो अहवाल जिल्हो प्रशासनाक सादर करचो अशी सुचोवणी क्लिटस हांणी केल्या.काल सांजवेळा साडे पाच वराच्या सुमारास ही उजाे लागपाची दुर्घटना घडिल्ली. तातूंत आठजाण कामगार जखमी जाल्ले. तांतल्या दोघांक काल मरण आयिल्ले जाल्यार हे पाच जाणांक जखमी अवस्थेत गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलात दाखल केल्ले. हेर चार जाणांचेर उपचार चालू आसात पूण तांची भलायकी चिंता करपासारकी आसा अशें कळीत

केला. वेल्डींगाचे काम चालू अ ासतना ही दुर्घटना जाली अशं े मुळाव्या चा ैकशेत दिसून आयला.

GST interview

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका  खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

**माधव बोरकार संमेलनाचे अध्यक्ष**

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 26 व्या अखिल भारतीय साहित्य संमेलनाचे अध्यक्ष म्हणून ज्येश्ठ कोंकणी कवी माधव बोरकार हांची एकमतान निवड जाली. परिशदेचे हालींच जाल्ले आमसभेचे बसकेंत हो निर्णय जालो. साहित्य संमेलन 22 आनी 23 नोव्हेंबराक केरळ राज्यांतल्या एर्नाकुलम शारांत ए. जे. हॉलांत घडून येवपाचें आसा. साहित्य अकादेमी अणकार पुरस्कारय तांकां प्राप्त जाला. हाचे भायर, कोंकणी भाशा मंडळ, टी. एम. ए. पै पुरस्कार, विश्व कोंकणी केंद्राचो विमला पै पुरस्कार, गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार, गोवा कोंकणी अकादेमी कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार तांकां फावो जाल्यात. साहित्य संमेलनाचें आयोजन करपाची जापसालदारकी केरळांतल्या कोंकणी संस्थांनी संयुक्तपणान घेतल्या. संमेलनाक हाजीर रावंक सोदपी प्रतिनिधींनी नांव-नोंदणी करूंक सुरवात केल्या.

## दिवाळी खरेदीक

दिवाळी खरेदी खातीर शेनवारा पणजी सयत राज्यांतल्या वेगवेगळया बाजारांत व्हड गर्दी जाल्ली. बाजारांत आकाशदिवे, पणत्यो, इलेक्ट्रीक लायटींचे सामान, रांगोळी, नरकासूराची मास्क, फुलांच्यो माळा, गांवठी फोव, सादे फोव, कारटां आदी खाणांची खरेदी करपाकूय बरीच गर्दी जाल्ली. हाका लागून शेनवारा बाजार वाठारां सयत चडशा मुखेल रस्त्यांचेर येरादारीची कोंयडी जाल्ली.

पणजी बाजारांत फाटल्या वर्साच्या तुळेंत वेगवेगळया वस्तूंचे दर वाडलां. पूण खरेदीची उमेद मात तशींच आसा. दिवाळे खातीर गरजेचें आशिल्ले गांवठी फोव 100 ते 120 रुपया किल दरान विकतात. सादें फोव 70 रुपया किल विकतात. आनी कारटां 20 रुपया 5 नग आसात.

बाजारांतल्या आकाशदिव्याचे दर आकार आनी डिजायनाचेर आदारून 200 ते 1000 रुपया मेरेन आसात. मातयेच्यो साद्यो पणत्यो डझनाक 50 ते 80 रुपया, कलर आनी डिजायन केल्ल्यो पणत्यो 15 ते 40 रुपया एक विकताले. इलेक्ट्रीक लायटीच्यो माळा 200 ते 1500 रुपया. कृत्रिम फुलांच्यो माळा 30 ते 150 रुपया विकतात.

## गोपूजन

भारतीय किसान संघाची शिरोडा ग्राम समिती बिरेस्तारा 22 ऑक्टोबराक दिवाळे-पडवाच्या दिसा तरवळे-शिरोडा हांगा  गोपूजन करतले.सकाळीं ९:०० वरांचेर तरवळेच्या ग्राम समितीच्या अध्यक्ष श्री सुजय प्रभुदेसाय हांच्या घराकडे, गाय आनी म्हशींक तेल आनी उदकान  न्हाण, योग्य उपासना, धूपा दीपा वांगडा

पूजन करतले. ह्या गोपूजन कार्यावळींत वांटो घेवपाची इत्सा आशिल्ल्या दुदाचे शेतकार, शेतकार इश्ट आनी गाय मोगींक सकाळीं 9:30 मेरेन हाजीर रावपाचें आवाहन केलां.सावत्स गोपूजनाच्या निमतान भारतीय किसान संघाचे दक्षिण गोंय समन्वयक  नरेश बालवे सकाळीं 10:00 वरांचेर मुखेल सोयरो आनी वक्तो म्हूण शेतकार इश्टांक मार्गदर्शन करतले.तशेंच रस्त्यार कॅम्पिंग करपी भटक्या गोरवांची राखण करपा खातीर आनी रस्त्यार अपघात जावचे न्हय म्हूण गोरवांच्या गळयांत आनी शिंगांचेर  किरणोत्सर्गी चिकट पट्ट्यो (रेडियम स्टिकर आनी पट्ट्यो) वांटतले.70

**गगन भररी**

शिक्षणीक वर्सा 2025-26 खातीर एसटी विद्यार्थ्याक गगन भररी शिक्षण  येवजण आनी मेरिट बेस्ड पुरस्कारा खातीर  अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक ३० नोव्हेंबर २०२५ मेरेन वाडयल्या. शालेय  पातळेचेर सत्यापनाची निमणी तारीक १५ डिसेंबर २०२५  अशी आसा जाल्यार जिल्हो पातळेचेर ३१  डिसेंबर २०२५ मेरेन अर्ज स्वीकारतले. गगन भररी शिक्षण येवजणे खाला मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर अर्ज सादर करपाची तारीख आनीक वाडोवंचे नात अशे संचालक दिपक एस देसाय हांणी कळीत केलां